**आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान येरादारी करपाक 1 जून मेरेन परवानगी**

ता. 27 मे 2020

आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान येरादारी करपा खातीर अर्ज केल्ल्या तारवां आनी बार्जिंक ता. 26 मे ते 1 जून 2020 दिसा सकाळी 10.00 मेरेन तांच्या स्वताच्या जोखीमेचेर येरादारी करपाक कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्याची परवानगी आसतली, पुण आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान वचपी तारवां आनी बार्जिंक ग्राह्य सर्वे सर्टिफिकेट/ग्राह्य इन्सुरन्स आसपाक जाय आनी हवामान योग्य आसपाक जाय, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान कळीत केला.

आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान येरादारी करपी तारवां आनी बार्जिंक तांच्या वजन तांकीच्या 2/3 वजन व्हरपाक मेळटले. एक्सटेन्शन सर्वे सर्टिफिकेट आशिल्ल्या तारवांक आनी बार्जिंक तपासणी केल्याबगर आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान येरादारी करपाक परवानगी आसची ना.

मांडवी आनी जुवारी न्हंयांतल्यो उफेवपी खुणो (बोयो) काडल्यात आनी त्याखातीर नाविकांनी चड खबरदारी घेवपाची गरज आसा. तशेंच मांडवी पूलांलागसार ते मांडवी न्हंयच्या मुखामेरेन ओव्हरटेक करपाक बंदी आसा. तारवांनी फेरीबोटीपासून सुरक्षीत अंतरावयल्यान येरादारी करची नेमांचे पालन करचे.

तारवां आनी बार्जिंक दिल्ली परवानगी कसलेय कारण दिनासतना फाटी घेवपाचो अधिकार खात्याक आसतलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/280

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA